# अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालया वतीन गोंयांतल्या अन्न वेवसाय ऑपरेटरांचो सत्कार

ता. 17 ऑगस्ट 2021

अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान आयज गोंय राज्यांतल्या अन्न वेवसाय ऑपरेटरांचो सत्कार केलो आऩी अन्न सुरक्षा संघटनेच्या "योग्य खायांत" (ईट राईट) उपक्रमाच्या प्रोत्साहनाखातीर काम केल्ल्या अन्न वेवसायिकांक नितळसाण रेटिंग प्रमाणपत्रां भेटयली.

अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयाच्या कॉन्फरन्स हॉलांत आयोजीत कार्यक्रमाक उत्तर गोंयचे जिल्हाधिकारी श्री अजित रॉय आनी दक्षीण गोंयच्यो जिल्हाधिकारी श्रीमती रुचिका कात्याल उपस्थित आशिल्ल्यो.

कार्यक्रमाच्या सुरवातीक अन्न आनी वखदां प्रशासन खात्याच्यो संचालिका श्रीमती ज्योती सरदेसाय हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

ह्या वेळार जिल्हाधिकाऱ्यांच्या हस्तुकीं लघुपट आऩी निबंध सर्तीच्या जैतवंतांक रोख इनामां आनी प्रमाणपत्रां भेटयली. दोनीय सर्तीखातीर "योग्य खायांत" हो विशय आशिल्लो. निबंध लेखन सर्तीत कु. आद्या गायतोंडे, मिताली राजकर आनी जोनाहा फेर्राव हांका अनुक्रमें पयले, दुसरे आनी तिसरे इनाम फावो जाले. रविना अवळकर आनी रिषी आमरे हांका उमेद वाडोवपी इनाम भेटयले.
शॉर्ट फिल्म सर्तीत (ज्युनियर गटात) पयले इनाम सेंट झेवियर अकादमी, पोरणे गोंय, दुसरे संताक्ष कामत आनी पंगड आनी तिसरे इनाम सरकारी हायस्कूल, फोंडा हांका फावो जाले. सिनियर गटात पयले इनाम सेंट त्रिसा हायस्कूल आनी दुसरे इनाम संभाजी मोरे आनी पंगडाक फावो जाले.

म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याचे श्री श्याम गांवकर, कला आनी संस्कृती

खात्याच्यो श्रीमती सिद्धी थळी आनी अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयाचे अधिकारी नेल्सन फर्नांडिस हांणी सर्तींचे परिक्षण केले.

उत्तर गोंयचे जिल्हाधिकारी श्री अजित रॉय हांणी ईट राइट उपक्रमाखाला राज्यांत स्वच्छता रेटिंग आनी ईट राईट कॅम्पस सर्टिफिकेशन मोहिम आयोजीत केल्ले खातीर अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयाची तोखणाय केली.

दक्षीण गोंयच्यो जिल्हाधिकारी श्रीमती रुचिका कात्याल हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

सर्टिफिकेशन मोहिम ही अन्न सुरक्षा संघटनेच्या "योग्य खायांत" (ईट राईट) उपक्रमाचो एक भाग आसून अन्न सुरक्षा उपायांक पाळो दिवप आनी सगळ्यांक सुरक्षीत आनी पौष्टिक अन्न उपलब्ध करप हो उपक्रमाचो उद्देश आसा.

श्री रिचर्ड नोरोन्हा हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले आनी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/698

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji